गोंय सरकार

म्हायती आनी प्रसिध्दी खातें

पणजी–गोंय

पत्रक

**मुख्यमंत्र्याहस्तूकीं सचिवालयात स्वातंत्र्यसैनिकांचे फोटो लायले**

ता. 18 जून 2019
28 ज्येष्ठ 1941

मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांचे हस्तूकीं आयज सचिवालयात स्वातंत्र्यसैनिक डॉ. राम मनोहर लोहिया, पुरूषोत्तम काकोडकर, बाळा राया मापारी, टी.बी.कुन्हा, विश्‍वनाथ नारायण लवंदे आनी शाबू बाबन नाईक देसाई हांचे फोटो लायले.

स्वातंत्र्यसैनिकांनी आपल्या जीणेचो त्याग करून गोंय पुर्तुगिजांच्या सत्तेतल्यान मुक्त केले. आमी तांच्या त्यागाचो उगडास करपाक जाय आनी प्रशासनात क्रांतीपर्व घडटले हाची अपेक्षा बाळगूपाक जाय. आमी लोकसेवक जावन आसा आनी सामान्य मनशाक बरी सेवा दिवपाक बांदील आसात. सरकारी कर्मचा–यांनी समर्पित भावनेन काम करपाक जाय. प्रशासन सुरळीत चलपाखातीर आमी एकमेकाक सहकार्य करपाक जाय अशें मुख्यमंत्र्यान हयावेळार उलयतना सांगले.

हयावेळार सरकारी सचिव, अधिकारी आनी कर्मचारी हजर आशिल्ले.

मा/वाप/एनजी/जॉआ/विगा/सुसुका/2019/332